**Aakashvani Panaji National news 8.40 am 2nd November 2025**

Pm chattisgarh

प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदी यांनी आज छत्तीसगड, हरियाणा, कर्नाटक, केरळ आणि मध्य प्रदेशच्या जनतेक त्यांच्या स्थापना दिसानिमित्त शुभेच्छा दिल्यात. सोशल मीडिया पोस्टच्या मालिकेत, मोदीनी छत्तीसगडच्या जनतेक शुभेच्छा दितना म्हणले की, राज्य प्रगतीचे नवीन मापदंड स्थापित करपाक गुंतला. राज्यातली खुपशे वाठार जे एकेकाळार नक्षलवादान प्रभावित आश आशिल्ले, ते आता विकासा खातीर स्पर्धा करतात. Byte state

शेतकार भाव भयणींच्या अथक परिश्रमान, आपल्या सैनिकांच्या अतुलनीय शौर्यान आणि आपल्या तरणाट्यांच्या उल्लेखनीय कामगिरीन हरियाणाची ऐतिहासिक भूमी पुराय देशा खातीर एक उदाहरण आसा. कर्नाटकच्या जनतेक शुभेच्छा दितना हे राज्य ज्ञानात रुजलेल्या प्रगतीच्या भावनेचे प्रतीक आसा अशे म्हणून जी त्याच्या साहित्य, कला आणि संगीतात तसेच कर्नाटकच्या लोकाच्या उत्कृष्टता आणि कष्टाळू स्वभावात दिसता अशे मोदीनी म्हणले. केरळच्या लोकांक शुभेच्छा दिसना मोदीनी राज्याचे निसर्गरम्य भूदृश्य आणि शेकडयांन शेकडो पोरणे दायज भारताच्या उत्साही सांस्कृतिक वैभवाचे प्रतिबिंब आसा अशे म्हणले

-------------------------------------

Pm chattis

प्रधान मंत्रीनरेंद्र मोदीनी आज छत्तीसगडच्या दौऱ्यावेळार नया रायपूर हांगा ब्रह्माकुमारींच्या शांती शिखराचे उक्तावण केले. हे केंद्र आध्यात्मिक शिक्षण, शांती आणि ध्यानाचे आधुनिक केंद्र आसा. देशाचो विकास त्याच्या राज्यांच्या विकासाकडे जोडलेलो आसा. या मंत्राच्या मार्गदर्शनाखाला, सरकार भारताक विकसित राष्ट्र करपाक वचनबद्ध आसा अशे मोदी उलयले. या प्रयत्नात ब्रह्माकुमारींसारख्या संघटनांची महत्त्वपूर्ण भूमिका आसा अशे ताणी म्हळे. Byte shanti

भारत पुराय जगात सैमाचो सांबाळ करपी आवाज थारला अशेय मोदी उलयले --

-----------------------------------

Pm goa

प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदी २८ नोव्हेंबराक काणकोणच्या श्री संस्थान गोकर्ण पर्तगाळ जीवोत्तम मठाक भेट दितले आणि मठाचे परमपुज्य विद्याधीश तीर्थ स्वामीजीच्या शुभ उपस्थितीत देशातल्या सगळ्यात उंच भगवान रामाच्या पुतळ्याचे अनावरण करतले

--------------------------------------

Draupadi murmu

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू आयज सावन उत्तराखंडाचा तीन दिसांच्या भोंवडेर आसतल्यो. आयज त्यो हरिद्वारांत पतंजली विद्यापिठाच्या दुसऱ्या दीक्षांत सुवाळ्यांत हाजीर रावपाच्यो आसात. फाल्यां राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू उत्तराखंड राज्याच्यात देहरादून हांगाच्या उत्तराखंड विधानसभेक मार्गदर्शन करतल्यो .

--------------------------------------

Bahrain

बहरीनाचे विदेश वेव्हार मंत्री अब्दुलतीफ बिन रशीद आल्झायानी आयज भारताचा दोन दिसांच्या भेटीर नवी दिल्ली पावतले. ह्या भेटी वेळार बहरीनाचे विदेश वेव्हार मंत्री आनी भारतचे विदेश वेव्हार मंत्री dr एस जयशंकर हांची भेट जातली.

--------------------------------------

Prasar Bharti

प्रसार भारती संस्कृती मंत्रालयाच्या सहकार्यान आयज सावन ह्या म्हयन्याच्या 29 तारखे मेरेन देशभरांतल्या 24 केंद्रांनी आकाशवाणी संगीत सम्मेलनाची 67 वी आवृत्ती घडोवन हाडटली. म्हायती आनी प्रसारण मंत्रालयान , १९५४ वर्सा सुरू जाल्ल्यान आकाशवाणी संगीत सम्मेलन भारतांतली एक मानाची सांस्कृतीक परंपरा म्हणून उबी रावल्या अशे सांगलें . हिंदुस्तानी, कर्नाटक, आनी उजवाड आनी लोकसंगीत हांचे उत्कृश्ट प्रवाह देशभरांतल्या प्रेक्षकांमेरेन हाडपाखातीर ताची कल्पना केल्ली. ह्या सम्मेलनाचो तपशील दितना प्रसार भारतीचे सीईओ गौरव द्विवेदी

हांणी , कोवीड महामारीक लागून थोडो वेळ खंडीत जाले उपरांत हो भव्य उत्सव अंदूं नव्यान उर्बेन परतून येता अशे सांगलें.

--------------------------------------

Bihar

राज्य विधानसभा वेंचणुके खातीर प्रचार निमाण्या पांवड्यार पावला आनी बिहारांत वेंचणुकेच्या प्रचाराचो नेट वाढला . राज्यांत वयल्या पांवड्यावेले फुडारी रॅली आनी रोडशो करतात. 18 जिल्हयांतल्या 121 विधानसभा मतदारसंघांचेर पयल्या पांवड्यार मतदान ह्या म्हयन्याच्या 6 तारखेक जावपाचें आसा.भाजपाचे वरिश्ठ फुडारी आनी प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज बिहाराक भेट दितले आनी दीसभर चलपी वेंचणुकेची प्रचार करतले. प्रधानमंत्री दोन रॅलींक मार्गदर्शन करतले . पयली आयज दनपारां अररा हांगा, उपरांत दुसरी नवादांत. आयज सांजवेळार ते पाटणाक परत येतले. उपरांत प्रधानमंत्री राष्ट्रकवि रामधारी सिंग दिनकर हांच्या पुतळ्याचेर फुलां ओपुन तांका श्रद्धांजली दितले आनी एनडीए उमेदवारांक प्रोत्साहन करपाक पाटणांत भव्य रोडशोंत वांटो घेतले. तशेंच पाटणा शारांतल्या तख्त श्री हरिमंदिर साहिब गुरूद्वाराक भेट दिवपाचे आसात. प्रधानमंत्री मोदी रोडशोय घडोवन हाडटले.मुजफ्फरपूर आनी वैशालींत भाजपाचे वरिश्ठ फुडारी आनी केंद्रीय घरमंत्री अमित शाह रॅलींत उलोवप करतले. कॉंग्रेस फुडारी राहुल गांधी, बेगूसराय आनी खगड़िया हांगा दोन रॅली करतले, जाल्यार महागठबंधनाचे मुख्यमंत्रीपदाचे उमेदवार तेजस्वी यादव मुंगेर, पाटना, वैशाली, आनी सारण हांगा जायत्या वेंचणुकेच्या रॅलींत उलोवप करतले.

--------------------------------------

Bharat parv

भारत पर्व, भारताच्या विविधतायेची परब मनोवपी 15 दिसांचो सांस्कृतीक अभिसरण काल सांजवेळा गुजरातांतल्या एकता नगरांत सुरू जालो. सरदार वल्लभभाई पटेल हांच्या १५०व्या जयंतीच्या निमतान, एक भारत श्रेष्ठ भारताची भावना मनोवप ह्या महोत्सवाचें उक्तावण गुजराताचे मुखेलमंत्री भूपेंद्र पटेल

हांणी केलें. उक्तावण सुवाळ्यांत उलयतना मुखेलमंत्री  भूपेंद्र पटेल हांणी, एक भारत श्रेष्ठ भारत , सैम, प्रगती, आनी सांस्कृतीक दायजाचें आंतरराष्ट्रीय उदाहरण जावन, संवसारा खातीर एक भारत श्रेष्ठ भारताच्या भावनांचो पुरावो म्हणून खंबीरपणान उबो आसा अशे सांगलें . तशेंच ‘सगल्यां खातीर उदरगत’ हो मंत्र पाळून आत्मनिर्भर आनी बरे भारत बांदपाचो संकल्प सगल्यांनी  घेवचो अशें तांणी सांगलें.

-------------------------------------

Ramohan naidu

केंद्रीय नागरी उड्डाण मंत्री के राममोहन नायडू आनी आंध्र प्रदेशाचे  आयटी मंत्री नारा लोकेश हांणी काल रातीं कासिबुग्गा हांगाच्या वेंकटेश्वर स्वामी देवळाक भेट दिली, थंय काल राती चिडडा चिड्डी जावन णव जाणांक मरण आयलें आनी जायते जाण जखमी जाले. फुडाऱ्यांनी थळाची तपासणी करून पलासा कम्युनिटी हेल्थ सेंटरांत जखमींक मेळ्ळे आनी दुख्खी कुटुंबांक सांत्वन दिलें. मंत्री लोकेश हाणी राज्य सरकारा कडल्यान दरेका  संवसारांत अंतरिल्ल्या व्यक्तीच्या  कुटुंबा खातीर 15 लाख रुपया आनी जखमीं खातीर 3 लाख रुपया एक्स ग्रेटिया जाहीर केलो. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणीय दुख्ख उक्तायलें आनी संवसारांत अंतरिल्ल्या व्यक्तीच्या  कुटुंबांक प्रधानमंत्री मदत निधींतल्यान 2 लाख रुपया आनी जखमींक 50 हजार रुपया भरपाय दिवपाची घोशणा केली. सगळ्या बळींक पुराय वैजकी आनी अर्थीक आदार दिवपाची खात्री मंत्र्यांनी दिली आनी गर्दी वेवस्थापन घटमूट करप, सीसीटीव्ही पळोवणी लावप, मुखेल देवळांनी सुरक्षेच्या वेवस्थेचो नियाळ घेवप अशें अधिकाऱ्यांक निर्देश दिले. राज्य सरकारान हे दुख्खाची सविस्तर चवकशी करपाचो आदेश दिला.

-------------------------------------

Iran

वॉशिंग्टन कडेन थेट वाटाघाटी करपाची तेहरानाची तय्यारी ना, पूण अप्रत्यक्ष उलोवणी वरवीं कबलात करूं येता अशें इराणी विदेश वेव्हार  मंत्री सेयद अब्बास

अरघची हांणी सांगलां. काल प्रसार माध्यमां कडेन उलयतना अरघचीन आपल्या अणुकेंद्रीय कार्यावळीचें शांततायेचें स्वरूप परतून सांगून इराणाचें युरेनियम समृध्दी थांबवंक मेळना अशें सांगलें. अणुकेंद्रीय सुविधांनी देशाक व्हड लुकसाण जालां. 22 जून दिसा इराणी नतांज, फोर्डोव आनी इस्फाहान ह्या तीन अणुकेंद्रीय सुविधांचेर अमेरिकेच्या बॉम्बस्फोटाचो ताचो उल्लेख आशिल्लो.

-------------------------------------

Imd

भारतीय  हवामान खात्यान आयज अंदमान आनी निकोबार जुंव्यांत उटांगराचो पावस पडपाचो आनी गडगड येवपाचो  अदमास उक्तायला . गुजरात आनी मध्य प्रदेशाच्या   सुवातींनीय  गडगड आनी वीज येवपाची  शक्यताय आसा.

-------------------------------------

Sports

आयसीसी बायलांच्या एका दिसाच्या  क्रिकेट विश्व करंड सर्तींत  आयज नवी मुंबयंत जावपी शिखर सामन्यात  भारताचो पंगड  दक्षिण आफ्रिकेच्या  पंगडा आड खेळटलो. भारतीय मानक वेळा प्रमाण दनपारां 3 वरांचेर ही मॅच सुरू जावपाची आसा.

-------------------------------------